*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं गोंय पक्षी उत्सवा वयल्या व्हेबसायटीचे उकतावण**

ता. 3 डिसेंबर 2019

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल आपल्या आल्तिना वयल्या सरकारी निवास्थानाचेर पक्षी उत्सवा वयल्या (www.birdfestival.goa.gov.in) ह्या व्हेबसायटीचे उकतावण केले. गोंय सरकाराच्या रान खात्यावतीन ता. 17 ते 19 जानेवारी 2020 मेरेन सत्तरी तालुक्यातल्या वाळपय आनी सुर्ला हांगा आपल्या तिसऱ्या पक्षी उत्सवाचे आयोजन करपात येतले.

भौशीक बांदकाम मंत्री श्री. दिपक पावसकर, आमदार श्री. प्रतापसिंह राणे, श्रीमती अलिना साल्डाणा, श्री. प्रसाद गांवकार, रान खात्याचे प्रधान सचिव श्री. पुनित कुमार गोयल, प्रधान मुख्य रानपाल श्री. सुभाष चंद्रा, मुख्य रानजीव रक्षक श्री. संतोष कुमार, राज्य रानजीव मंडळाचे वांगडी आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

गोंयांत थळाव्या आनी स्थलांतरीत जावपी पक्षांच्यो मेळून 450 पक्षांच्यो जाती आढळतात. रानजीव आनी तांच्या अधिवासाचो सांबाळ करपा विशीं जागृताय करप हो ह्या उत्सवाचो उद्देश आसून उत्सवात पक्षांच्या जातींचेर खास भर आसतलो. ह्या उत्सवात देशभरातले आनी विदेशातले प्रतिनिधी सहभागी जातले. हो उत्सव लोकाखातीर उकतो आसतलो आनी लोकांखातीर अल्प नोंदणी शुल्क आकारतले. उत्सवाच्या काळात तज्ञ आनी जाणकार व्यक्ती पक्षी आनी रानजीव संरक्षणाचेर आपले अणभव मांडटले.

पुराय उत्सवाक उपस्थीत रावप शक्य नाशिल्ल्या खातीर दिसाची रान भोंवडी आयोजीत करतले. ह्या भोंवडेत वाळपय, बोंडला, मोले आनी म्हादय रान वाठारांत अनेक तरांचे पक्षी पळोवपाची लोकांक संद मेळटली.

उत्सवाच्या काळात प्रस्नोत्तरी सर्त, रानजीव फिल्म शो, व्हिडिओग्राफी आनी फोटोग्राफी सर्त आयोजीत करपात येतली. ह्या सर्तींनी वाटो घेवपा खातीर प्रवेशीका रान खात्यात स्विकारतले. इत्सुकांनी चड म्हायती खातीर http://birdfestival.goa.gov.in ह्या संकेतथळाक भेट दिवची.

म्हा /सप/ जाॅआ/ विगां/ 2019/827

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA